# मेगा अपार दिसांची यशस्वी अंमलबजावणी
# 70 टक्के विद्यार्थ्यांची APAAR ID नोंदणी पुराय

ता. 2 डिसेंबर 2024

शिक्षण संचालनालयान राज्यांत 9 आनी 10 डिसेंबराक मेगा अपार दिस मोहिमेची यशस्वी अंमलबाजावणी करून मुखेल शाळांतल्या 70 टक्के विद्यार्थ्यांची APAAR ID नोंदणी पुराय केल्या. मेगा अपार दिसांनी सगल्या शाळांनी UDISE पोर्टलाचेर विद्यार्थ्यांची म्हायती अपडेट करप आनी APAAR Ids तयार करपाचे काम जाले.

मेगा अपार दिस मोहिम यशस्वी करपाक शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे, राज्य प्रकल्प संचालक आनी SCERT संचालक श्रीमती सरीता गाडगीळ हांणी संबंदीत अधिकाऱ्यांक आनी शिक्षकांक योग्य मार्गदर्शन केले.

शिक्षण वेवस्थेत कार्यक्षमता आनी पारदर्शकता वाडोवपा खातीर अपार आयडी म्हत्वाची आशिल्ल्याचे सांगले. हो उपक्रम 'वन नेशन, वन स्टुडंट आयडी' कार्यक्रम आनी 2020 च्या राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 कडेन सलग्न आसा.

ऑटोमेटेड परमनंट ॲकॅडमिक अकाउंट रजिस्ट्री (APAAR) आयडी सिस्टीमच्या अंमलबजावणीतल्यान विद्यार्थ्यांची शाळांतली नावनोंदणी, सगल्या विद्यार्थ्यांच्यो शिक्षणीक नोंदणी आनी हेर नोंदी वेवस्थित दवरपा खातीर पोर्टल डिजायन केला.

मेगा अपार दीस मोहिमेच्या एकाच दिसा अपार आयडी नोंदणी 25,100 वयल्यान 41,600 चेर पावली. प्रत्येक झोनातल्यान टॉप 20 शाळांनी 70 टक्क्या वयर अपार आयडी नोंदणी प्रक्रिया पुराय केल्या. राज्यांतल्या पुर्व प्राथमिक आनी प्राथमिक शाळांक 20 जानेवारी 2025 मेरेन आनी माध्यमिक शाळांक 15 जानेवारी मेरेन 70 टक्के अपार आयडी नोंदणी पुराय करपाचे उद्दीश्ट दिला.

APAAR आयडी हो देशभरांतल्या शाळांनी नोंदणी केल्ल्या प्रत्येक विद्यार्थ्याक दिल्लो 12-अंकी वळख क्रमांक आसा. हो आयडी विद्यार्थ्यांच्या शिक्षणीक प्रगतीची म्हायती नोंद करपा डिजिटल लॉकर म्हणून काम करता, जातूंत परीक्षेचो निकाल, प्रमाणपत्रां आनी हेर म्हायती आनी दाखल्यांची नोंद आसता.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/715

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.